मुखेल खबरो

अठराव्या लोकसभेचे पयले अधिवेशन आयज सावन सुरु जातले.

घरमंत्री अमित शहा हांणी हंवार व्यवस्थापनाच्या तयारीचो नियाळ घेवपाखातीर घेतली उच्चेल्या पावंड्यावेली बसका.

NEET-UG परीक्षेची प्रश्नपत्रिका झारखंडातल्या हजारीबागातल्या एका व्यावसायिक टोळीयेन लीक केल्ली अशें बिहार पोलिसांच्या आर्थिक गुन्यांव शाखेन म्हळा.

केंद्रिय कोळसो आनी खण मंत्री जी किशन रेड्डी आनी कोळसो आनी खण राज्यमंत्री सतीश चंद्र दुबे आयज नवी दिल्लीत म्हत्वाच्या खण ब्लोकांच्या लिलावाच्या चवथ्या पावंड्याचे करतले उक्तावण.

दादल्यांच्या आयसीसी संवसारीक कप टी-२० क्रिकेट सर्तीत आयज भारत सुपर-8 फेरीयेत ऑस्ट्रेलिया आड झुंजतलो.

PARLIAMENT SESSION-60

आज अठराव्या लोकसभेचे पयले अधिवेशन फाल्यां सुरु जातलें. अधिवेशनात नव्यान वेचून आयिल्ल्या खासदारांक सोपूत दितले. हंगामी सभापती म्हणून नेमिल्ले भाजपाचे वरिश्ठ खासदार भरतरुहारी महताब नव्यान वेंचून आयिल्ल्या लोकसभा खासदारांक सोपूत दितले. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचे 27 जूनाक लोकसभा आनी राज्यसभेच्या संयुक्त बसकेंत अभिभाषण जातले. राज्यसभेचें अधिवेशन ह्या म्हयन्याच्या 27 तारखेक सुरु जातलें. संसदेचें अधिवेशन फुडल्या म्हयन्याचे 3 तारखेक सोंपतलें.

किरण रिजिजू ४०

संसदीय वेव्हार मंत्री किरण रिजिजू हांणी आयजसावन सुरु जावपी 18 व्या लोकसभेच्या अधिवेशनात सगळ्या नव्यान वेचून आयिल्ल्या खासदारांक येवकार दिला. एका सोशल मीडिया पोस्टवरवी श्री रिजिजू हांणी म्हळे, सगळ्या वांगड्यांक शक्य तितली मजत दिवपाक आपूण तयार आसा. सभाघराच्या कामकाजात सगळे वांगडी समन्वय दवरतले, अशी आस्तूंय तांणी हेवेळार उक्तायली.

Amit Shah-230

Jain peramen गृहमंत्री अमित शाह हाणी भारतिय हवामान खात्याक आनी केंद्रीय उदका आयोगाक हुंवाराचे बरे तरेन वेवस्थापन करपा खातीर न्हयांच्या उदका पातळेची अदमास पद्दत सुदारपाचे यत्न करचे अशें निर्देश दिल्या. हुंवार वेवस्थापनाचे तयारेचो नियाळ घेवपा खातीर नवी दिल्लीत शाह हांच्या अध्यक्षते खाला उच्चस्तरीय बसका जाली. देशांत हुंवाराचे धोके उणे करपा खातीर व्यापक आनी दूरगामी धोरणाची अंमलबजावणी करपाखातीर दीर्घकालीन उपाययोजनांचों नियाळ घेतलो. वीज पडपा संबंदी आयएमडीचे अलर्टस एसएमएस, टीव्ही, एफएम रेडिओ आनी हेर माध्यमांतल्यान लोकां मेरेन पावोवचे अशें निर्देश तांणी दिले. वेगवेगळ्या खात्यांनी विकसित केल्ल्या हवामान, पावस आनी हुंवाराची शिटकावणी संबंदीत ॲप्स एकत्रित करपाच्या गरजेचेर तांणी भर दिलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला देशांतलें आपत्ती वेवस्थापन 'शून्य जिवीत हानी' हे उद्धिष्ट दवरून मुखार वता अशें शाह हाणी सांगले. हुंवाराच्या अदमासाक वापरिल्ल्या सगळ्या उपकरणांच्या कार्यपद्दतीची चवकशी पुराय करपाचो निर्देश तांणी केंद्रीय उदका आयोगाक आनी हवामान खात्याक दिलो. तशेंच सगल्या मुखेल धरणांचे हुंवाराचे दार बऱ्या स्थितीत आशिल्ल्याचेखात्री करपाचे निर्देश तांणी दिले. केंद्रीय उदका आयोगाचीं हुंवार निरिक्षण केंद्रां देशाच्या गरजां प्रमाण आनी आंतरराष्ट्रीय मानकां प्रमाण आसूंक जाय अशें तांणी सांगलें, शाह हाणी हिमनदीच्या हुंवाराच्या प्रकोपाक तोंड दिवफ्स्चे तयारेचोय नियाळ घेतलो. तशेंच राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरण-एनडीएमए आनी पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयाक रानांतल्या

उज्याच्यो घडणुको आडावपा खातीर सुरक्षेचे उपाय घेवपाचे निर्देश गृहमंत्री अमित शाह हाणी दिल्यात. केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सीआर पाटिल, गृह राज्यमंत्री नित्यानंद राय, केंद्रीय गृह सचीव, वेगवेगळ्या मंत्रालयां आनी खात्यांचे सचीव आनी वरिश्ठ अधिकारी हे बसकेक हाजीर आशिल्ले.

युजीसी अध्यक्ष ६०

सरकार विद्यार्थ्यांच्या भविष्याचे राखण करपाखातीर सक्रिय पावला उखलीत आसा अशें, NEET-UG परीक्षेच्या संदर्भात केंद्रीय शिक्षण मंत्रालयान हालीच उखलील्या पावलांचेर, UGC चे अध्यक्ष ममिदला जगदेश कुमार हांणी म्हळा. आकाशवाणीकडेन ते उलयताले. देशातल्या परीक्षांची विश्वासार्हता तिगोवपाखातीर सरकारान फाटल्या कांय दिसांत खूपशी पावला उखल्ल्यात. प्रतिष्ठित तज्ज्ञांचो आस्पाव आशिल्ली समिती लेगित स्थापन केल्या अशेंय यूजीसीच्या अध्यक्षांनी हेवेळार म्हळे.

एस जयशंकर ५०

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांणी काल अबुधाबीत UAE चे विदेश मंत्री शेख अब्दुल्ला बिन झायेद बिन सुलतान अल नाह्यान हांची भेट घेतली. दोनूंय देशांमदल्या वाढट्या व्यापक धोरणात्मक भागीदारीचेर खोलायन आनी अर्थपूर्ण चर्चा जाली अशें हेवेळार डॉ. जयशंकर हांणी सोशल मीडिया पोस्टवरवी म्हळे. प्रादेशिक आनी संवसारीक मुद्द्यांचेर यूएईच्या विदेशमंत्र्यांनी केल्ल्या चर्चेची तांणी हेवेळार तोखणांय केली.

उत्तराखंड मुखेलमंत्री - ५०

राज्यात समान नागरी संहिता लागू केल्ल्याविशी उत्तराखंडचे मुखेलमंत्री पुष्कर सिंह धामी हांका काल मुंबईत प्रतिष्ठित डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी पुरस्कारान भोवमानीत केले. दीप कमल फाउंडेशनान मुखेलमंत्री धामी हांका उत्तराखंडात

यूसीसीची देशात सगळ्यात पयली अंमलबजावणी करून आदले राजकारणी आनी बॅरिस्टर हांचे सपन पूराय केल्ल्याविशी ह्या पुरस्कारान भोवमानीत केले. काल उत्तराखंडच्या मुखेलमंत्र्यांनी मुंबईतल्या नामनेच्या सिद्धिविनायक देवळाक भेट दिली.

NEET-UG बिहार - ७०

NEET-UG परीक्षेची प्रश्नपत्रिका झारखंडातल्या हजारीबागातल्या एका व्यावसायिक टोळीयेन लीक केल्ली अशें बिहार पोलिसांच्या आर्थिक गुन्यांव शाखेन म्हळा. ह्या टोळीतल्या 13 जणांक खास तपास पथकाने अटक केल्या आनी ह्या प्रकरणाचो तपास सुरू आसा. सा.)

राष्ट्रीय परीक्षा एजन्सीवरवी निर्धारित वाहतूक, साठवण, हस्तांतर आनी टेकओव्हरच्या मानक ऑपरेटिंग प्रक्रियेकडेन छेडछाड केल्यान पेपर लीक प्रकरण घडले अशेंय एका प्रसिद्धीपत्रकात, आर्थिक गुन्यांव शाखेन म्हळा. फुडल्या तपासाखातीर हे प्रकरण केंद्रीय अन्वेषण विभागाकडेन दितले अशेंय आर्थिक गुन्यांव शाखेन म्हळा.)

MINES AUCTION - 125

केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी किशन रेड्डी आनी कोळसो आनी खण राज्यमंत्री सतीश चंद्र दुबे आयज नवी दिल्लीत म्हत्वाच्या खनिज ब्लॉकांच्या लिलावाच्या चवथ्या टप्प्याचे उक्तावण करतले. हातूंत दोन अधिसुचीत खाजगी तपास एजन्सींक प्रमाणपत्रां दिवपाचोय आस्पाव आसा अशें मंत्रालयान सांगला. खनिज संपत्ती काडपाची कार्यक्षमताय वाडोवपा खातीर आनी ताचे रुपांतर कार्यक्षम अर्थीक मिश्रधातू आनी धातूंत करपा खातीर स्टार्टअप, संशोधन आनी विकास संस्थांक अनुदानाची मान्यताय पत्रां दितले अशें मंत्रालयान सांगलां. संशोधन परवानो धारकांक संशोधन खर्चाची आंशिक परतफेड करपाची येवजणय ह्या वेळार जाहीर करपाची आसा. देशाच्या अर्थीक उदरगतींत आनी खनिज सुरक्षेत महत्त्वपूर्ण खनिजांची भूमिका महत्त्वाची आसा अशें मंत्रालयान सांगलें.

खण आनी खनिज उदरगत आनी नियमन कायद्यांत 2023 वर्सा दुरुस्ती केल्ली. हाचे खाला केंद्र सरकाराक 24 म्हत्वाच्या आनी रणनितीच्या खनिजांक सुट दिवपाक मान्यताय दिवपाचो अधिकार मेळ्ळो.

श्रीनगर - ७०

जम्मू आनी काश्मीरतल्या श्रीनगर शाराक संवसारीक हस्तकला परिषदेन अधिकृतपणान "संवसारीक हस्तकला शार" म्हूण मान्यताय दिल्या. उपराज्यपाल मनोज सिन्हा हांणी ह्याविशी मनाकाळजासावन परबी भेटयली. कारागिरांच्या खर यत्न आनी असामान्य प्रतिभेचो हो पुरावो आसा, अशें तांणी हेवेळार सांगले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी जम्मू-काश्मीरातल्या हस्तकला आनी हातमाग क्षेत्राक खूप ऊर्बा दिल्या अशेंय तांणी म्हळे.

आतां सांस्कृतीक आनी हस्तकला दायजाची आवड आशिल्ले पर्यटक श्रीनगरा कडेन चड आकर्शीत जातले अशी आस्त आसा. हेआदी 2021त, श्रीनगराक हस्तकलेखातीर युनेस्को क्रिएटिव्ह सिटी म्हूण मान्यताय मेळील्ली.

क्रिकेट ८०

डॅरेन दादल्यांच्या आयसीसी संवसारीक कप टी-२० क्रिकेट सर्तीत आयज भारत सुपर-8 फेरीयेत ऑस्ट्रेलिया आड झुंजतलो. हो खेळ भारतीय वेळेप्रमाण राती ८ वरांचेर सेंट लुसिया, ग्रोस आयलेटातल्या सॅमी नॅशनल क्रिकेट स्टेडियमाचेर जातलो. याआदी ह्या दोनूय पंगडामदी जाल्ल्या 31 टी-20 खेळात भारतान 19 खेळांनी जैत जोडला. तर ऑस्ट्रेलियान फकत अकरा खेळात जैत जोडला तर एक खेळ बादाबाद उरला.

काल राती बार्बाडोसच्या ब्रिजटाऊनातल्या केन्सिंग्टन ओव्हलाचेर जाल्ल्या खेळात आदले वस्ताद इंग्लंडान सह-येजमान यूएसए पंगडाचेर १० गड्यांनी जैत जोडून उपांत्य फेरीयेत पावल घाले.

वन डे क्रिकेट ६०

भारतीय बायला क्रिकेट पंगडान बेंगळुरुतल्या एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर जाल्ल्या तिसऱ्या आनी निमण्या एकादिसाच्या खेळात दक्षिण आफ्रिकेक सहा गड्यानी हारोवन ह्या खेळामाळेत ३-० अशें जैत जोडले. दक्षिण आफ्रिकेन कुरुबावलो जिकून पयली फलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो.

भारताच्या दीप्ती शर्मान बेसबरी गोलंदाजी करताना 27 धावंड्यात दोन गडे बाद केले. दक्षिण आफ्रिकेचो डाव 215 धावंड्यात सोपलो. त्याउपरांत स्मृती मानधनान 90 धावंड्यो करून भारताक ह्या खेळात जैत मेळोवन दिले.

युरो 2024 ३०

फ्रैंकफर्टांत युरो 2024 खेळा सर्तीत अ गटात जर्मनी आनी स्वित्झर्लंड पंगडामदी जाल्लो खेळ बादाबाद उरलो. निकोलस फुलक्रग हांणे उसरा केल्ल्या गोलाक लागून जर्मनी पंगडान हो खेळ १-१ असो बादाबाद दवरपाक येस मेळयले.

IMD WEATHER - 125

हवामान खात्यान फुडले पांच दीस दक्षिण भारतांत उटगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. नैऋत्य पावस अरबी दर्याच्या आनीक कांय वाठारांकडेन, गुजरात, महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, ओडिशा आनी झारखंडकडे फुर्डे सरला. फुडल्या कांय दिसांनी मान्सून आनीक फुर्डे वचपाची शक्यताय आसा. अस्तंत मध्य प्रदेश, गुजरात आनी अंदमान आनी निकोबार जुव्यांचेर आयज जायत्या सुवातींनी गडगड, वीज आनी खर वारें सयत हळुवार पावस पडूं येता, उत्तर प्रदेश, बिहार, झारखंड आनी ओडिशा हांगा फुडल्या पांच दिसांनी गडगड, वीज आनी खर वारें सयत पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडले पांच दीस ईशान्य भारत आनी अस्तंत बंगालाचेर उटनगराच्या पावसाची परिस्थिती कायम उरतली. मजगती, अस्तंत उत्तर प्रदेश, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी दिल्लीतल्या कांय सुवातींनी

आयज आनी फाल्यां खर कालोराची परिस्थिती तिगून उरपाची शक्यताय आसा. हाचे उपरांत परिस्थिती सुदारतली.